प्रादेशिक खबरो

7.11.2025 @ 7.20 PM

वंदे मातरम ह्या राष्ट्रीय गीताची देडशे वरा पुराय जाव्पाची कार्यावळ पुराय देशभरात व्हड उमेदीन मनयली

ह्या गीतांतल्यान प्रेरणा घेवन आमच्या स्वातंत्र्या खातीर झुजपी देशा खातीर जगचें अशें आवाहन मुखेल मंत्री प्रमोद सावंत हाणी तरनाट्यांक केला

गोयात जावपी आगामी भारतीय आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सव - इफ्फी २०२५ त ८१ देशांतले २४० चित्रपट प्रदर्शित जातले

गोवा विद्यापिठान 10 ते 14 नोव्हेंबर  मेरेन भोपाळ मध्य प्रदेशांत  सेजी विद्यापिठांत जावपी AIU साउथ वेस्ट झोनल इंटर युनिव्हर्सिटी जूडो सर्तींत खातीर जूडो दादले आनी बायलो पंगड वेंचून काडल्या

Modi 50

वंदे मातरम ह्या राष्ट्रीय गीताची देडशे वरा पुराय जाव्पाची कार्यावळ पुराय देशभरात व्हड उमेदीन मनयली. प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीनी आज नवी दिल्लीत"वंदे मातरम्" या राष्ट्रीय गीताच्या १५० व्या वर्षाच्या स्मरणोत्सवाचे उक्तावण केले. तांणी हे वेळार एक स्मारक तिकीट आणि नाणेय प्रकाशित केले. "वंदेमातरम्१५०.इन" हे पोर्टलय सुरू केलेहे वेळार उलयताना प्रधान मंत्रयान म्हळे

Rashmi/dip 212

कला अकादमीच्या मास्टर दिनानाथ मंगेशकर सभाघरात आयज  भारताचे राष्ट्रीय गीत ‘वंदे मातरम’ ह्या गीताच्या 150व्या वर्साच्या फाटंभुयेंर खासा शासकीय कार्यावळीचे आयोजन  केल्ले. ह्या गीताची दरेक ओळ आमच्या

मातृभूमीची तोखणाय करता आनी इतली  विविधताय आशिल्ल्या भारताक एकठांय हाडपाची प्रेरणा हें गीत आमकां दिता. ह्या गीतांतल्यान प्रेरणा घेवन आमच्या स्वातंत्र्या खातीर झुजपी देशा खातीर जगचें अशें हांव तरणाट्यांक आवाहन करतां. भारताचे प्रगती खातीर तशेंच 2047 वर्साच्या विकसीत भारताच्या सपना खातीर जगात, तरणाट्यां खातीर जायत्यो संदी आसात. राष्ट्राच्या सपनांतल्यान आपलीं सपनां पुराय करात आनी राष्ट्र निर्माते जायात अशें मुखेल्मंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी तरणाट्यांक आवाहन केलें. हें गीत आमच्या देशाचें काळजाचें ठोके जाल्या अशे मुखार उलयतना तांणी म्हणलें. फुडली कांय दसका  म्हत्वाची आसात आनी तातूंत तरणाट्यांची व्हडली भुमिका आसा अशें तांणी सांगलें.

सुरवेक सगल्यांनी  एकठांय 'वंदे मातरम्' हें गीत गायले. कला अकादमीच्या कर्मचाऱ्यांनी देशभक्ती वाद्यगीतां सादर केलीं. कला आनी संस्कृती सचीव संतोष सुखदेव,  हांणी 'वंदे मातरम' हें गीत देशाच्या स्वातंत्र्य संघर्शाच्या काळांत लाखांनी भारतीयांचें झुजाचें गीत आशिल्लें आनी 150व्या वर्साचो उगडास वर्सभर चालू उरतलो अशें सांगलें.ह्या वेळार  बांकीम चंद्र चटर्जीची 'आनंदमठ' कादंबरी मानेस्तांनी प्रदर्शीत केली. ह्यावेळार राज्याचे मुखेल सचिव वी. कान्दावेलु, उत्तर गोंय जिल्होधिकारी अंकित यादव, कला आनी संस्कृती खात्याचे संचालक  विवेक नायक, शाळेचे विद्यार्थी तशेंच सरकारी अधिकारी, शिक्षक व्हडा आकड्यान हाजीर आशिल्ले.

आकाशवाणी  60

आज नवी दिल्लीत आकाशवाणी भवनात वंदे मातरमच्या १५० व्या वर्धापन दिसानिमित्त आयोजित कार्यक्रमात वृत्तसंस्थेचे अतिरिक्त महासंचालक धीरज एम. काकडिया सहभागी जाले. या कार्यक्रमात खुपशा कलाकारांनी एकठांय येऊन न्यू ब्रॉडकास्टिंग हाऊसच्या परिसरात राष्ट्रगीत गायले. आकाशवाणी न्यूज कडे उलयताना, सहभागी प्रभास श्रीवास्तव यांनी वंदे मातरम गावपाची संध मेळील्याबद्दल आनंद व्यक्त केलो. त्यांनी हे आपल्या खातीर आणि आपल्या टीमीखातीर  अभिमानाचो खीण अशे म्हटले.

DIP 60

‘वंदे मातरम’ ह्या राष्ट्रगीताची 150 वर्सां पुराय जावपाची परब गोंय नौदल एनसीसीच्या क्रमांक 1 नौदल एनसीसी विभागान पेडणेच्या बहुउद्देशीय खेळां स्टेडियमांत व्हड उमेदीन मनयली. राज्यभरांतल्या वेगवेगळया शाळांनी आनी म्हाविद्यालयांतल्यान सुमार 600 नेव्हल एनसीसी कॅडेटांनी ह्या कार्यावळींत वांटो घेतिल्लो. भारताच्या स्वातंत्र्य संघर्शाक प्रेरणा दिवपी आनी राश्ट्रीय एकचार घटमूट करपी कालातित राश्ट्रगीताक नमन करपाक एक औपचारिक परेड आनी एनसीसीचो ध्वज हुबोवन उत्सवाची सुरवात जाली.

Rashmi 150

आयनमेन ७०.३ गोवा, फाटो सरतीची पांचवी आवृत्ती ९ नोव्हेंबराक मिरामार हांगा सुरू जातली. ह्या सर्तीत अंदु ३१ देशांतल्यान सुमार १३०० जान भाग घेतले अशी म्हायती भारत आयनमेन सरतिचे संस्थपक दीपक राज हांणी दिल्या, आयज आयनमेन सर्तीची पदका आनी जर्सीचे नामनेची बॉलिव्हुड अभिनेत्री सयामी खेर, आयनमेन सर्तीच संस्थापक दिपक राज, तशेंच वेवसायिक अजय खन्ना हांच्या हस्तुकी अनावरण जाले.

ह्या सर्तीत 1.9 km पेवप , 90 km चलोवप and 21.1 km धावप अशो सर्ती आसतल्यो. गोंय राज्य आता ह्या सर्तीच्या आयोजनाखातीर केंद्र जावपाक लागला. ह्यो सर्ती हेर देशांनी आयोजित करप खुब खर्चीक जाता, मात गोंयांत रावप, येरादारी, खेळाक लागपी पोशक वातावरण सगळेच उपलब्ध आशिल्लयान गोय अशा खेलाच्या सर्तीखातीर योग्य थारता अशे दिपक राज हांणी ह्यावेळर म्हणले.निरशेवणी आनी ताण पयस करपाक खेळातल्या उर्जा मेळटा. ह्याच कारणाक लागुन हांव आयनमेन ह्य सर्तीक जोडल्या अशे सयामी खेऱ हांणी ह्यावेळार म्हणला.एकदा वेळ गेलो काय तो परत मेळना, पयशे करु येता, मात बऱ्या भलायकी खातीर फीट रावप महत्वाचे अशे सयामीन ह्यावेळार म्हणला.

सुभाष 80

आदिवासी विद्यार्थ्यां खातीरच्यो केंद्रीय शिश्यवृत्ती अर्ज करपाची मुजत वाडयल्या अशी म्हायती गोंय सरकाराच्या आदिवासी वेव्हार संचालनालयान दिल्या. दरेका शाळेच्या प्राचार्यांनी ही म्हायती विद्यार्थ्यां मेरेन पावोवंची अशेंय परिपत्रकांत म्हणलां, जाका लागून खंयचोच अनुसुचीत जातीचो विद्यार्थी ह्या शिश्यवृत्ती पासून वंचित उरचो ना. केंद्रीय शिश्यवृत्ती खातीर विद्यार्थ्यांक 30 नोव्हेंबर 2025 मेरेन अर्ज करपाक मेळटले. शाळेच्या नोडल शिक्षका खातीर अर्ज मंजूर करपाची निमाणी तारीख 20 डिसेंबर मेरेन आसा, जाल्यार राज्य पांवड्यार तो 30 जानेवारी 2026 मेरेन उरतलो.20 डिसेंबर मेरेन विद्यार्थ्यांचे अर्ज मान्य करून केंद्र सरकाराच्या एनएसपी पोर्टलाचेर अपलोड करचे अशेंय परिपत्रकांत म्हणलां.

सुशांत 100

मडगावात तयार जावपी कोयराचेर दर दिसा प्रक्रिया करपाखातीर सोनसडो हांगा रोखडोच गॅसिफिकेशन तंत्रज्ञानाचेर चलपी प्रकल्प सुरु जातलो. मडगावचे नगराध्यक्ष दामोदर शिरोडकार हांणी ही म्हायती दिली. हो प्रकल्प उबारपाचे काम पुण्यातल्या कंपनीक दिला. डिसेंबर म्हयन्याच्या निमण्या सप्तकात वा जानेवारी म्हयन्याच्या पयल्या सप्तकात हो प्रकल्प सुरु जातलो. ह्या प्रकल्पात सरमिसळ आशिल्ल्या कोयराचेर प्रक्रिया जाता अशें तांणी सांगलें. आयज मडगांव पालिका मंडळाची खाशेली बसका जाली. ह्या बसके उपरांत प्रसार माध्यमांकडे उलयताना शिरोडकार हांणी, ह्या प्रकल्पात दर दिसा धा टन कोयराचेर प्रक्रिया जातली. सुमार साडेसात कोटी रुपया खर्चून हो प्रकल्प बांद्तले अशें तांणी सांगलें. आयच्या बसकेत मडगाव शिगमोत्सव पालिके वतीन मनोवपा खातीर एक समिती काडपाचो निर्णय घेतलो.

इफ्फी 120

गोयात जावपी आगामी भारतीय आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सव - इफ्फी २०२५ निर्मात्यां खातीर जगाकडे एक पूल म्हण काम करतलो अशे.नवी दिल्लीत पत्रकार परिषदेत उलयताना माहिती आणि प्रसारण राज्यमंत्री डॉ. एल. मुरुगन हाणी म्हणले.चित्रपट महोत्सवात ८१ देशांतले २४० चित्रपट प्रदर्शित जातले,देखुन इफ्फी भारतीय चित्रपटांक एक जागतिक व्यासपीठ प्रदान करतले. इफ्फीत एआय आणि एआय-आधारित सामग्री खातीर समर्पित विभागासयत नवीन तंत्रज्ञानाचो समावेश करतले. या वर्षी बायलांनी दिग्दर्शित केले ५० परस चड चित्रपट प्रदर्शित करतले जाका लागुन सरकारच्या नारी शक्तीच्या दृष्टिकोनाक चालना मेळतली अशे ताणी सांगले

हे विशी माहिती आणि प्रसारण सचिव संजय जाजू हाणी माहिती दिली byte

हे वेलार भारताच्या फिल्मात वापरपि तंत्राण्यानावीशी फिल्म कलाकार, निर्माता आणि निर्देशक शेखर कपूर हाणी सांगले

भारतीय फिल्म जागतिक पावडयार महत्वाची आणि मुखार पावलयात हे विशी तानी सांगले

Dip 130

गोवा विद्यापिठान 10 ते 14 नोव्हेंबर 2025 मेरेन भोपाळ मध्य प्रदेशांत सेजी विद्यापिठांत जावपी AIU साउथ वेस्ट झोनल इंटर युनिव्हर्सिटी जूडो सर्तींत वांटो घेवपा खातीर जूडो दादले आनी बायलो पंगड वेंचून काडल्या.पंगडां खातीर किट वितरण आनी निरोप सुवाळो 5 नोव्हेंबरक गोंय विद्यापिठाच्या खेळां विभागांत आयोजीत केल्लो.

वेदर 40

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 31.2 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 22.9 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात

फुडले काय दिस काय वाठरांनी ह्ल्को प्रमाणात पावस आणि धुकेय  पडू येता .
चडशे वातावरण सुके आस्तले  अशे वेधशाळेन कळीत केला